# मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं

ता. 3 नोव्हेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक परबीं आनी शुभकामनां भेटयल्यात. दिवाळी सण सार्वत्रिक करुणा, शांतीकायेचो आंतरिक उत्साह, मोग आनी सगळयांखातीर एकतेची जाणीव सुचीत करता.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा ''सद्‌गुणांचे देवता श्री राम चौदा वर्सांच्या वनवासा उपरांत आपल्या राज्यांत परत आयिल्ल्याच्या उगडासाक दिवाळी सण मनोवपात येता. दिवाळी हो एक सण आसा, जो लोकांची मना आनी काळजां एकतेच्या भावनेन प्रकाशीत करता. दिव्यांचो सण सगळयांक सुख, शांती आनी समृद्धी घेवन येव."

दिवाळीचो सण काळखाचेर उजवाडाचे, वायटाचेर बऱ्याचे, निराशेचेर आशेचे आनी अज्ञानाचेर ज्ञानाचे जैत मनयता. उजवाडाचे काळखाचेर आनी सद्‌गुणाचे वायटाचेर जैत आसता हे आमी मतीत दवरपाक जाय. अशाच तरेन लसीकरणावरवीं आमी कोवीड-19 म्हामारीच्या प्रभावातल्यान आमी सवकसायेन मजबूत जातात," अशें ते फुडें म्हणटा.

"ह्या दिवाळीच्या प्रसंगार आमी जबाबदारीच्या भावनेन वंचीत लोकांमेरेन पावया आनी जाता ते भशेंन तांच्या मुखामळार हासो हाडपाचो प्रयत्न करूया," अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

यशाच्या मार्गातल्या प्रत्येक आडमेळीचेर मात करपाखातीर हो सण आमकां चड सामर्थ्य आनी शक्त दिव, अशी हांव प्रार्थना करता. दिवाळीच्या दिव्य दिव्यांवरवीं शांतीकाय, समृद्धी, उत्साह आनी बऱ्या भलायकीचो उजवाड पसरू, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/917

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji